# <u>आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंयचे दालन</u>

ता. 12 नोव्हेंबर 2021

नवी दिल्लीच्या प्रगती मैदानाचेर 14 ते 27 नोव्हेंबर 2021 मेरेन आयोजीत केल्ल्या 40 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंय राज्य सहभागी जातले. प्रगती मैदानाचेर गोंयचे दालन उबारतले. प्रत्येक वर्सा गोंय राज्य ह्या मेळाव्यात वाटो घेता आनी त्या खातीर म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते नोडल एजन्सी आसा. दक्षीण-आशिया वांठारात जावपी हो एक मोठो वेपार मेळावो आसून फाटल्या वर्सा कोवीड म्हामारीक लागून तो जावपाक पावलो ना. ह्या वेपार मेळाव्याक देसभरांतल्यान लोक भेट दितात.

. "आत्मनिर्भर भारत-नव्या भारताचे व्हिजन" अशी ह्या वर्साच्या मेळाव्याची संकल्पना आसा. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यासयत उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य खाते, पर्यटन खाते, हस्तकला, टॅक्सटायल आनी कॉयर, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळ, उद्देगीक विकास म्हामंडळ आनी गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळ ह्या मेळाव्यात सहभागी जातले.

प्रगती मैदानाचेर उबारपात येवपी गोंयच्या पेव्हेलीनात गोंयची प्रगती, गोंयांत गुंतवणूकी खातीर उपलब्ध आशिल्ल्यो साधनसुविधां, पर्यटन, गोंयची खाणां-जेवणां, सरबराय, कला- संस्कृती आनी हेर सुविधांचेर प्रदर्शन मांडपात येतले. तशेंच दालनाक भेट दिवपी लोकांक गोंयच्या म्हायती वयली पुस्तीका वाटपात येतली.

ह्या वर्सा गोंयांतले सुमार शंभर कारांगिर मेळाव्यात वाटो घेतले आनी आपल्या कारागिरीच्या उत्पादनांचे प्रदर्शन मांडटले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/942

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji